प्रादेशिक खबरा

आकाशवाणी पणजीच्या

25.02.2025 @ 7.20 pm

मुखेल खबरो

- अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाच्या फांटभुयेर मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षतायेखाला आयज प्रशासन,साधन सुविधा तशेंच हेर विशयाचो नियाळ घेवपी खासा  उच्च पांवड्यावेली बसका  जाली.
- 14 व्या डी.डी कोसंबी महोत्सवात मनशाची सध्याच्या काळातली मानसिकता ह्या विशयाचेर नामनेची कादंबरीकार अल्का सारोंगी हांचे उलोवप जाले
- अंदुचो कार्नावाल महोत्सव 1-4 मार्च ह्या काळात जातलो.अंदुचो कींग मोमो म्हण क्लीवन मेथ्युव फर्नाडीस हांका वेचल्यात
- अपार कार्ड सुरू करून सुमार 3 लाख शाळेंतल्या विद्यार्थ्यां खातीर डिजिटल शिक्षणांत क्रांती घडोवन हाडपाक गोंय तयार आसा.

रश्मि 80

अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाच्या फांटभुयेर मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या अध्यक्षतायेखाला आयज प्रशासन,साधन सुविधा तशेंच हेर विशयाचो नियाळ घेवपी खासा  उच्च पांवड्यावेली बसका  पर्वरे सचीवालयात जाली. ह्यावेळार आपप्तकालीन सेवा दीवपी 112 यंत्रणा बेगोबग सेवा दीवपाच्याा नदरेतल्यान कार्यरत करप, दर एका गांवांत  3 किलो मीटर अंतराचेर बँक आसप,परवडपी घरा बांधप,शार नियोजन,तशेंच पणजी, वास्को, मडगांव आनी म्हापसा शारात वीवीध कामा चालीक लावपा वीशी चर्चा जाली.ह्यावेळार मुखेलंत्री तशेंच गृह मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी राज्याच्या कायदो आनी सुवेवस्थेचो नियाळ

घेतलो.ह्यावेळार वेगवेगळ्या सरकारी खात्याचे सचीव,अधीकारी तशेंच कर्मचारी हाजीर आशील्ले.

रश्मि 120

जग आधुनिक आनी पुरोगामी जाला,आनी जगाच्या ह्या सर्तीत मनीसुय घुसपटला,सकारात्मकते परस जगात नकारात्मकता वाडला हे संसारात घडपी वेगवेगळ्या घडणुका सावन दीसुन येता,अशा परीस्थीतीन मनशान स्वतचो,स्व: अस्तीत्वाचो सोद घेयत सकारात्मकतेन आनी वास्तववादी जावन जगप महत्वाच अशे नामनेची कादंबरीकार अल्का सारोंगी म्हणला.ती 14 व्या डी.डी कोसंबी महोत्सवात मनशाची सध्याच्या काळातली मानसिकता ह्या विशयाचेर उलयताली.

अन्न,सैमीक स्रोतांचो उपेग,मोबायल फोनाच्या जगातल्यान प्रत्यक्ष जीणेत जगप हे बाबतीन मनशांन बारकायेन विचिर करप ही काळाची गरज आसा ,ही मानसिकताच मनशांकच्या अर्थान जगप कशे ते शिकोंवक शकता,मनशान सुवार्थी आसच्या परस धादोस आसप गरजेचे,सामाजीक वाद उप्रासुंक जायना जाल्यार स्वतची जवाबदीरी कीते हाची जाणवीकाय लेगीत मनशाक आसपाक जाय अशे सरोंगी हांणी म्हणला.हे वैचारीक बदल घडोवपाक साहीत्य आनी साहीत्यिक महत्वाची भुमिका वठोंवक शकता,मात हे खातीर समाजातले सगळे पैलु,वास्तवीक परीस्थीतीची जाण आनी ते वीशी बरोवप जावप महत्वाचे अशेय सरोगी हांणी म्हणला.

सुशांत 170

केपे तालुक्यात आशिल्ल्या फातर्पे ह्या गावात पुराय पाषाणान बांदिल्ल्या श्री सप्तकोटेश्वर देवळाचो परिपूर्णताय सुवाळो ४ मार्चा सावन सुरु जावपाचो आसा.

६ मार्चाक ह्या देवळाचेर कळस चढयतले. आयज घेतिल्ले पत्रकार परिषदेत देवस्थानाचे अध्यक्ष दिवाकर नायक देसाय हांणी ही म्हायती दिली. पुरायपणाण पाषाणान बांदिल्ले गोंयांतलें हे दुसरेच देवूळ जावन आसा. पयले पाषाणान बांदिल्ले देऊळ सध्या तांबडीसुर्ला हांगा आसून ते कदंब राजवटीत बांदिल्ले. हा सुवाळो ८ मार्चमेरेन चालू आसतलो. फातर्पेच्या श्री शांतादुर्गा भूमिपुरुष सप्तकोटेश्वर संस्थानाच्या जाग्यार हें देवूळ बांदलां आनी आतां भक्तांक आकर्शण थारला अशी म्हायती हे संस्थेचे अध्यक्ष दिवाकर नायक देसाय हांणी आयज दिली. ह्या वेळार जाल्ले पत्रकार परिशदेंत देवस्थान समितीचे सचीव संतोष नायक देसाय, भांडारी आनंद नायक देसाय तसेच आदले अध्यक्ष गोविंद नायक देसाय आनी शाबा नायक देसाय हाजीर आशिल्ले. सुमार एक हजार चौखण मीटर सुवातेत हें देवूळ बांदला. ताची उंचाय ४५ फूट इतली आसा. हे उंचायेचें गोंयांतलें हें एकमेव देवूळ असा दावो देवस्थान समितीन केला. ह्या देवळा मुखार उबारिल्लो आयुधपुरूश खांबो 23 फूट उंचायेचो आसा, ताचेर 4 फूट त्रिशूल बसयल्या उपरांत ह्या खांब्याची वट्ट उंचाय 27 फूट जातली अशी म्हायती देवस्थान समितीन दिली.

रश्मि 110

अंदुचो कार्नावाल महोत्सव 1-4 मार्च ह्या काळात जातलो.कार्नावलाची सुरूवात गोंयची राजधानी पणजे सावन 1 मार्चाक जातली.जाल्यार मडगांवा 2 मार्चाक,वास्को 3 मार्चाक,जाल्यार म्हापसा आनी मोरजे 4 मार्चाक कार्नावल जातले अशी म्हायती गोंय पर्यटन उदरगत म्हामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक कुलदीप आरोलकार हांणी दीली.तशेंच फ्लाय ओव्हराचे काम सुरू आशील्यान अंदु पर्वरे कार्नावल महोत्सव ना करपाचो निर्णय पर्वरे कार्नावल महोत्सव समितीन घेतला अशी म्हायती आरोलकार हांणी दील्या.ते पर्यटन भवनात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार उलयताले.गोयांत सगळ्या धर्माच्या नागरीकांनी खोशयेन शांतीकायेन एकचारान रावचे अशे आवाहन ह्यावेळार अंदुचो कींग मोमो क्लीवन

मेथ्युव फर्नांडीस हांणी केला.पत्रकार परीशदेदरम्यान अंदुच्या कार्नावलाचे theme song मानेस्तांनी launch केले.कार्नावल महोत्सवादरम्यान सुरक्षिततायेची तशेंच येरादारीची कोयंडी जावची न्ही म्हण उपाय येवजण केला अशी म्हायती कुलदीप आरोलकार हांणी ह्यावेळार दीली.

PTI 260

अपार कार्ड सुरू करून सुमार 3 लाख शाळेंतल्या विद्यार्थ्यां खातीर डिजिटल शिक्षणांत क्रांती घडोवन हाडपाक गोंय तयार आसा. ही खाशेली डिजिटल वळख नर्सरी सावन 12 व्या मेरेनच्या विद्यार्थ्यांच्या कामगिरी आनी हेर गरजेच्या तपशीलांचेर फाट पुरवों करतली, जाका लागून एक अखंड आनी व्यापक शिक्षणीक प्रवास सुनिश्चीत जातलो. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या मार्गदर्शना खाला गोंयचे मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी येवपी शिक्षणीक वर्सा सावन सगल्या विद्यार्थ्यां खातीर आपार (Automated Permanent Academic Account Registry) कार्ड सक्तीचें केलां. APARAR वरवीं विद्यार्थ्यांक आतां शेणील्या प्रमाणपत्रांचो हुस्को करपाची गरज ना, कारण तांकां खंयच्याय वेळार, खंयच्याय सुवातेर तांचे शिक्षणीक नोंदी मेळूं येतात. हो डिजिटल उपाय तांचीं प्रमाणपत्रां सदांच हातांत आसात हाची खात्री करता. ते भायर, ॲकॅडमिक बँक ऑफ क्रेडीट्स विद्यार्थ्यांक तांचे क्रेडीट सोंपेंपणान ट्रॅक करप, वेवस्थापन आनी हस्तांतरीत करपाक एक विनाशिल मार्ग दिता, जी नव्या शिक्षण धोरणाच्या (एनईपी) परिवर्तनकारी ध्येयां कडेन पुरायपणान जुळटा. भुरग्यांक अनावश्यक कागदपत्रे बाळगूपाक गरज ना, तांकां तांच्या डिजीलॉकरांत ते मेळटले. पालक, शिक्षक, संस्था आनी विद्यार्थी स्वता तांच्या APAAR ID वापरून सगळ्या कागदपत्रांचो सोद घेवंक शकतात .

गोंयांत अपार नोंदणी विक्रमी काळांत 30 टक्क्यां वयल्यान 70 टक्क्यां मेरेन वाडल्या, 116 शाळांनी शंबर टक्के पालन साध्य केल्यात. राज्यभरांतले शिक्षक

ह्या उपक्रमाचो स्वीकार करतात आनी अपाराक "विद्यार्थ्यां खातीर आजीवन पासपोर्ट" अशें म्हणटात.

"सगले प्रमाणपत्र खंयच्याय वेळार डिजिटल रितीन मेळटले, देखून खंयचोच दस्तावेज गमावपाचो प्रस्न ना आनी आनीक एक फायदो म्हणल्यार आतां शिक्षणीक पतपुरवठ्याच्या बँकां खातीर नव्या शिक्षणीक धोरणांतर्गत क्रेडिट सिस्टमकडे वळतात, डिजीलॉकराक लागून अपारा खातीर हें खूब म्हत्वाचें थारतलें."

राष्ट्रीय आपार चालीक लावपाक गोंय अभिमानान 12वे सुवातेर आसा आनी वेगान प्रगती करता. तंत्रगिन्यान, धोरण आनी दृश्टीकोन हांच्या गतिशील मिश्रणान राज्य कार्यक्षम, सुलभ आनी फुडाराक तयार अशी शिक्षण प्रणाली घडयता.

डेस्क 95

कला अकादेमीच्या विद्यार्थी विभागाचें 49 वें राज्य कला प्रदर्शन 13 ते 17 मार्च 2025 मेरेन कला अकादेमी, पणजी-गोंय हांगाच्या कला दालनात जातलें. नेम आनी अटी वांगडा प्रवेश फॉर्म कला अकादेमीच्या कार्यालयांत आनी कला अकादेमीच्या संकेतथळार kalaacademygoa.co.in 3 मार्च 2025 सावन मेळटले. ह्या प्रदर्शना खातीर नोंदी 10 आनी 11 मार्च 2025 दिसा सकाळीं 10:00 ते दनपारां 1:00 आनी दनपारां 2:00 ते दनपारां 4:00 मेरेन कला दळन, पणजी-गोंय हांगा स्वीकारतले.निर्दिश्ट तारीक, वेळ आनी अपूर्ण प्रवेशिका नोंदी मान्य करच्यो नात. सगल्या इत्सूक गोंयकार कलाकारांनी थारायिल्ल्या काळा भितर आपले प्रदर्शना वांगडा आपली नोंदी सादर करची अशें कला अकादेमीन आवाहन केलां.

सुशांत 70

नावेली मतदारसंघात येवपी सायपे तळे आणि भोवतणच्या वाठाराचे सोबितीकरणाच्या कामाक आयज सावन सुरुवात जाली. ५ काेटी रुपया खर्चून हे काम हातात घेतला. थळावे आमदार उल्हास तुयेकार हांणी ह्या कामाचे उक्तावण केले. सायपे तळ्याचो वाठार सुशोभित करपावांगडाच ह्या तळ्यांतलाे गाळ उपसून निवळ करतले अशें ह्यावेळार तुयेकार हांणी सांगले. ह्या सुवाळ्याक नावेलीचे सरपंच मायकल कार्दोज, जिल्हो पंचायत वांगडी एडवीन कार्दोज, रोझरी इगर्जीचे पाद्री फादर गाब्रिएल कुतिन्हो तसेच पंचवांगडी आणि थळावे लोक हाजीर आशिल्ले.

सुशांत 120

गोंयांत नर्सिंगचो उणाव जाणवता हे खातीर मडगावच्या दक्षिण जिल्हो हॉस्पिटलात रोखडेच नर्सिंग इन्स्टिटयूट सुरु करतले अशी म्हायती भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी दिली.

ह्या हॉस्पिटल इमारतीचे वयले दोन मजले रिकामे आसात. त्या दोन मजल्यांचेर हे केंद्र सुरु जातले अशें तांणी सांगलें.

मडगावच्या मोती डोंगर ह्या वाठारात नगरपालिका प्रशासन संचलनालय आनी भलायकी खाते हांच्या जोडपालवान सुरु केल्ल्या आयुशमान आराेग्य केंद्राचे आयज राणे हांच्या हस्तुकी उक्तावण जाले. ह्यावेळार मडगावचे आमदार दिगंबर कामत हे हाजीर आशिल्ले. दक्षिण गोंय हॉस्पिटल हे सेंटर ऑफ एक्सलन्स हॉस्पिटल म्हूण मुखार हाडपाय जाय. ह्या हॉस्पिटलात एनजीओप्लास्टी, एन्जीओग्राफी हांच्या वांगडाच आर्थोपॅडीक आनी न्युरोलॉजी सुविधा उपलब्ध करुन दितले अशें तांणी सांगलें. गोंयांत कॅन्सर पिडेस्तांचेर उपचार करपाखातीर गोंय सरकारान ऑक्सफर्ड विद्यापीठ आनी मुंबयच्या टाटा हॉस्पिटलाकडेन सामंजस करार केला अशेंय तांणी सांगलें.

पीटीआय 130

हवामानाच्या उपक्रमांक सध्याचें अर्थीकीकरण अपेक्षीत पातळे परस खूब कमी आशिल्ल्यान 2070 मेरेन निव्वळ शून्य लक्ष्याक आदार दिवपा खातीर सरकार राष्ट्रीय हरित अर्थीक संस्था स्थापन करपाक वावुरता अशें नीती आयोगान सांगलां. ही व्हडली  तफावत भरपा खातीर समर्पीत राष्ट्रीय हरित  वित्तपुरवठा संस्थेची कल्पना कल्पना करूं येता अशें आयोगान 2024-25 वर्साच्या वर्सुकी अहवालांत म्हणलां. वेगवेगळ्या स्त्रोतां वयल्यान हरित भांडवल एकठांय करप आनी भांडवल खर्च उणो करप हो संघटनेचो मुखेल हेत आसतलो अशें तातूंत म्हणलां. NaBFID/NABARD आदारीत बँको, IREDA सारकिल्ल्या सद्याच्या संस्थांचे पुनर्प्रयोजन; GIFT सिटीतले हवामान निधी, ग्रीन इनव्हिट तशेंच संवसारभरांतल्या ग्रीन बँकां कडल्यान उत्तम पद्दतींचें विश्लेशण आसपावीत आसा.

गोंय उश्ण आनी दमट परिस्थिती वांगडाच सुकें हवामान पणजे हांगा सगळ्यांत चड चडांत चड तापमान ३७.४ सॅ.सगळ्यांत उणें उण्यांत उणें तापमान 21.6 सॅ. आर्द्रता ५८% उश्ण आनी दमट परिस्थिती पाची खूब शक्यताय आसा. गोंयचे हवामान सुकें आसत

- सकाळीं उथळ ते मध्यम धुकें पाची खूब शक्यताय आसा.

आनी आता खबरो सोपोवचे पयली काय मुखेल खबरो

आनी ईतल्यान ह्यो प्रादेशिक  खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें फालया सकाळी सात वरा पंचवीस  मिनटांचेर. नमस्कार